Panaji national news 20 dec 2025 ,6.30pm

## गुवाहाटी प्रधानमंत्री

आसामांतल्या गुवाहाटी शारांत आयज दनपारां लोकप्रिया गोपीनाथ बारडोलोई आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलें. तशेंच ताच्या नांवान आशिल्ल्या विमानतळाच्या नव्या टर्मिनला भायर आसामाचो पयलो मुख्यमंत्री गोपीनाथ बर्दोलोय हाची 80 फूट उंचायेची पुतळी उक्ती केली. गुवाहाटींतल्या भौशीक मेळाव्याक संबोधीत करतना तांणी म्हणलें, आयज उदरगतीचो उत्सव मनयपाचो दीस आनी परतून एक फावट आसामाच्या उदरगतींत नवो अध्याय जोडपाक लागला.हो फकत आसामाचो न्हय तर पुराय ईशान्य देशाच्या उदरगतीचो उत्सव अशें तांणी सांगलें.90

## प्रधानमंत्री SSB

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज शास्त्र सीमा बाळ (एसएसबी) उबारपाच्या दिसा निमतान सगल्या कर्मचाऱ्यांक परबीं दिल्यांत. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान सांगलें, एसएसबीचें अखंड समर्पण सेवा आनी बलिदानाची उंचेली परंपरा दाखयता.तांणी फुडें सांगलें, ह्या दळाची कर्तव्याची घट भावना राष्ट्राचे सुरक्षेचो एक म्हत्वाचो खांब उरल्या. आव्हानात्मक वाठारांत आनी मागणी आशिल्ल्या कार्यावळीच्या परिस्थितींत देशाची राखण करपाक एसएसबी कर्मचाऱ्यांची भुमिका उजवाडाक हाडून श्री मोदी हांणी सांगलें की हें दळ राष्ट्राचे सेवेंत सदांच जागृत आसा.

## प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज केंद्रीय मंत्री शिवराज सिंग चौहान हाचो विक्षित भारत जी रॅम जी विधेयकाच्या हेताचेर भर दिवपी लेख शेअर केला. सोशल मिडिया पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, आधुनीक रोजगार हमी चौकटी वरवीं ग्रामीण उदरनिर्वाहांत बदल करपाचो हे विधेयक आसा. शेतकी उत्पादकता सुदारपा वांगडाच कामगारांची सुरक्षीतताय घटमूट करप, थळावें नियोजन आस्पावप, कल्याणकारी येवजण्यो एकठांय करप आनी फ्रंटलायन क्षमता वाडोवप हाचेर विधेयक भर दिता अशें श्री चौहान स्पश्ट करता अशें तांणी सांगलें. हें विधेयक समाज कल्याणाचें रोलबॅक न्हय तर ताचें नूतनीकरण, विकसीत आनी आत्मनिर्भर ग्रामीण भारताच्या दृश्टीकोना कडेन जुळटा अशें प्रधानमंत्री हांणी रेखांकित केलें.

## 120. Dr S. Jaishankar

विकसीत भारताचें परराश्ट्र धोरण महत्वाकांक्षी आसूंक जाय, दीर्घकाळाची, क्षितीज वाडोवपाची येवजण आसूंक जाय अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. Dr S. Jaishankar भारताची जागतीक स्थिती आनीक घटमूट करपा खातीर जाय तितल्या इश्टागत राश्ट्रांचो आस्पाव करपाची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो. पुण्यांत जाल्ल्या सिम्बायोसिस इंटरनॅशनल (डीमड) युनिव्हर्सिटीच्या 22व्या दीक्षांत सुवाळयांत विद्यार्थ्यांक संबोधीत करतना डॉ जयशंकर हांणी तरणाट्यांक, खास करून विद्यार्थ्यांक "विकसीत भारत @2047" हें ध्येय साध्य करपा खातीर राष्ट्राच्या प्रगतीचे मुखेल चालक जावपाक उलो मारलो.ह्या सुवाळयांत डॉ जयशंकर मुखेल सोयरे आशिल्ले. सद्याच्या काळांत तंत्रगिन्यान, भांडवल आनी गुंतवणूक ह्या सारक्या क्षेत्रांनी म्हत्वाचो दबाव आनी ताण आसा अशेंय परराश्ट्र मंत्र्यान नदरेक हाडलें. फुडाराच्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर भारतान आपली उत्पादन क्षमता वाडोवप, तंत्रीक वाड आनी एकंदर क्षमता निर्माण करपाचेर चड लक्ष दिवपाची गरज आसा अशें तांणी भर दिलो.

## लोसार महोत्सव

लडाखांत आयज लडाखी नव्या वरसा निमतान लोसार महोत्सव मनयतात . नायब राज्यपाल रविंदर गुप्ता हाणी लडाखांत भक्ती आनी खोशयेन भरीलल्या पारंपरिक नव्या वरसाची , म्हळयार लोसारची, भांगराळया खीणांची लडाखाच्या लोकांक परबी भेटयल्या. लोसार सगळयांच्या जिणेत शांती, समृद्धी आनी मोग आनी एकवट घेवन येव दि, अशे मागणे नायब राज्यपाल रविंदर गुप्ता हाणी मागले.

## 80 आयसीसी टी-20

भारतांतल्या क्रिकेट नियंत्रण मंडळान (बीसीसीआय) येवपी आयसीसी टी-20 विश्वचषक 2026 खातीर 15 खेळगड्यांची पंगड जाहीर केल्या.सूर्यकुमार यादव टी-20 विश्वचषक पंगडाचें फुडारपण करतलो. फिटनेस आनी फॉर्माच्या हुस्क्याक लागून शुबमन गिलाक उपकर्णधारपदांतल्यान काडून उडयला अक्षर पटेलाक परतून उपपदां मेळयांत.

विकेटकीपर-बल्लेबाज इशान किशन ,संजू सॅमसन आनी अभिषेक शर्मा जाल्या, रिंकू सिंगा, तिलक वर्मा, पेस ऑलराउंडर हार्दिक पांड्या, शिवम दुबे, स्पिन ऑलराउंडर अक्षर, वॉशिंग्टन सुंदर आनी रिंकू सिंग, वरुण चक्रवर्ती, कुलदीप यादव , जसप्रीत बुमराह, अर्शदीप सिंग आनी हर्षीत राणा हांचो आस्पाव आस.

## भारतीय  हवामान

भारतीय  हवामान खात्यान फुडले  4 दिस अस्तंत हिमालयाच्या वाठाराचेर बर्फ पडपाचो अदमास उक्तायला. जम्मू - काश्मीर आनी लद्दाखात  फाल्या व्हड प्रमाणांत बर्फ पडपाची शक्यताय आसा अशें भारतीय  हवामान खात्यान मुखार सांगला. दिल्ली, उत्तराखंड, हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत उत्तर प्रदेश, उत्तर मध्य प्रदेश आनी बिहारात फाल्यां सकाळीं मेरेन दाट धुकें आसपाची शक्यताय आसा असो भारतीय  हवामान खात्याचो अदमास आसा. आयज तेलंगणा आनी कर्नाटकांत थंड ल्हारां अणभवपाक मेळू येता अशे भारतीय  हवामान खात्यान सांगला.